# ‘भारत पर्व, उत्सवात गोंयच्या लोककलेचे सादरीकरण

ता. 28 जानेवारी 2026

नवी दिल्लीत "भारत पर्व" उत्सवात गोंयच्या कलाकारां वतीन दर दिसा गोंयच्या लोककलेचे सादरीकरण करपात येता. गोंयच्या पारंपरीक लोककला दायजाचेर सादर करपात येवपी सांस्कृतीक कार्यक्रमांक प्रेक्षकांचो उपाट प्रतिसाद मेळटा.

कुर्टी- केळबाय हांगाचो लोककला कलाकारांचो पंगड दिनेश प्रियोळकर हांच्या फुडारपणा खाला कळशी नाच, जागर, देखणी, घोडेमोडणी आदी लोककला प्रकार सादर करपात येतात.

कलाकारांच्या पंगडात दिनेश प्रियोळकर, विपुल गावडे, धिरज गावडे, प्रशांत गावडे, मंजीता नाईक, निकिता गावकर, अर्पिता सावंत आनी किरण गावकर ह्या कलाकारांचो आस्पाव आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/78

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.